**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं</u>**

ता. ९ सप्टेंबर 2021

मुख्यमंत्री श्री. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक चवथीची हुनहुनीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, गणेश चतुर्थी हो सगळ्यांचो आवडीचो आनी गोंयांत व्हडा प्रमाणात मनोवपात येवपी सण आसा. हो सण सगळ्या कुटुंबाक आनी इश्ट परिवाराक एकटाय हाडटा. श्रीगणेशाच्या आगमनान आपल्या घरांत वातावरण प्रसन्न जाता.

गणेश चतुर्थी हो सण आमच्या स्वयंपूर्णतेचे प्रेरणास्तोत्र आसा. गोंयच्या तांबड्या मातयेंत पिकिल्ली माटोळी आमच्या संपुर्णतेचे प्रतीक आसा. मातयेपासून तयार केल्ल्या श्रीगणेश मूर्तिची प्रतिष्ठापना करतना, आमी ह्या गोमंत भूमीच्या तांकीचे सामर्थ्य समजून घेवप अत्यावश्यक आसा.

चतुर्थीचें पावित्र्य सांबाळटना आमचे गतवैभव पुर्नस्थापित करपाचे ध्येय निश्चित करूया. गणेश चतुर्थी ज्या तरेन गोंयांत मनोवपात येता, तांतूत परंपरेचो आस्पाव आसा. तशेंच आमकां वेगवेगळ्यों हंगामी भाज्यों आनी घरगुती पदार्थां तयार करपाची संद मेळटा. अशो हंगामी भाज्यों आनी घरगुती पदार्थ आमच्या भलायकेक फायदेशीर आसता. आमी गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपाच्या उद्देशान पावलां मारिल्ली आसतनाच आमच्या शेतकांर भावांनी पिकयिल्ली उत्पादनां खरेदी करून तांकाय मदत करूया.

गोंय राज्याक कोविडमुक्त करपाखातीर प्रत्येकान आपल्या परीन सरकाराक मदत केल्ली आसून हांव सगळ्यांचे आभार मानता. खुशालकायेची गजाल म्हळ्यार गोंय राज्यांत ९० टक्के लसीकरण पूर्ण जाल्ले आसा. आमी कोविड मुक्त जावपाच्या दिकेन नेटान वाटचाल करतात. ते खातीर हांव समस्त गोंयकारांकडेन मागता की आपली जबाबदारी वळखून गणेश चतुर्थीचो सण उमेदीन आनी भक्तिभावान मनोवया,

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/763

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji